नमस्कार, आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता.

**PM Tenure**

देशांतल्या राजकारणांत सगळ्यांत चड काळ वेंचून आयिल्ल्या सरकाराचो मुखेली जावन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारतीय राजकारणांत ऐतिहासिक टप्पो गाठला. हाचे वांगडाच मोदीन 8,930 दीस सिक्किमाचे मुख्यमंत्री म्हणून पदाचेर रावपी पवन कुमार चामलिंगाक फाटीं घाल्या. आतां तांणी गुजरातचो मुख्यमंत्री आनी प्रधानमंत्री म्हणून आपलो कार्यकाळ एकठांय करून 8,931 दीस सरकाराचो मुखेली म्हणून कार्यकाळ पुराय केला. आपल्या कारकिर्दीच्या काळांत मोदी हांणी जायते उल्लेखनीय विक्रम केल्यात, स्वातंत्र्या उपरांत जल्मल्लो भारताचो पयलो प्रधानमंत्री आनी 2014, 2019 आनी 2024 वर्सा सलग तीन लोकसभा वेंचणुकांनी ते जैत जोडपी व्यक्ती आसात.

**Bihar Elections**

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन आणि प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी बिहार स्थापन दिसा निमतान देशांत आनी परदेशांत रावपी बिहारांतल्या लोकांक परबीं दिल्यां. सोशल मिडियाचेर राष्ट्रपती मुर्मू हाणी बिहाराक संवसारांतल्या पयल्या प्रजासत्ताकाची भूंय आनी वैभवशाली साम्राज्यांची जल्मभूंय तशेंच गिरेस्त संस्कृतीक आनी आध्यात्मिक परंपरांचे जन्मस्थान अशें वर्णन केलां. वेगवेगळ्या मळार आपल्या योगदाना वरवीं राज्यान भारताक सदांच समृध्द केला अशें सांगले. तशेंच राज्यांतले लोक आपल्या अफाट प्रतिभेन आनी कश्टान बिहाराच्या तशेंच पुराय देशाच्या उदरगतींत म्हत्वाची भुमिका करतले असोय विस्वास तिणें उक्तायलो.

**Russian Oil-**

रशियन कच्चें तेल व्हरपी एक्वा टायटन हें जहाज कर्नाटकांतल्या मंगळुरू (Manglore) शारांत पावलां. अस्तंत आशियांतल्या संघर्शा मदीं संवसारीक इंधनाचे दर स्थीर करपाच्या यत्नांत अमेरिकेन आयतारा तात्पुरतो सामान्य परवानो जारी करून दर्यांत पयलींच आडखून पडल्ल्या रशियन कच्च्या तेलाची विक्री करपाक परवानगी दिल्या उपरांत हे जहाज मंगळुरू Manglore पावला.

अमेरिकेंतल्यान पेट्रोलियम वायू (एलपीजी) व्हरपी आनीक एक मालवाहतूक जहाज मंगळूर (Manglore)बंदरांत पावलां. अमेरिकेच्या टेक्सास राज्यांतल्यान एलपीजी व्हरपी पायक्सीस पायनियर मालवाहतूक जहाज, बंदरांत येसस्वीपणान पावले.

**Election Commission**

वेचणूक आयोगान मतदानाच्या दिसा दरेक मतदान केंद्रात उण्यांत उणी सुविधा असल्याची खात्री करपाचे राज्यांच्या आनी केंद्र शासित प्रदेशांच्या मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्यांक निर्देश दिल्यात. पिवपाचें उदक, प्रतीक्षा कक्ष सुवातेकडेन सावळी आस्पक जाय. उदकाची सुविधा आशिल्लो शौचालय, फावो तसो उजवाड, विशेश मतदारांक योग्य रॅम्प, प्रमाणीत मतदान जागा, आनी योग्य फलक आसपावपाक जाय अशें आयोगान सांगला. मतदारांक वेंचणूक वळेरेंत आपलो मतदान केंद्र क्रमांक आनी सिरियल क्रमांक सोदून काडपाक मजत करपा खातीर दरेका मतदान केंद्राच्या सुवातेर मतदार मजत बूथ स्थापन करपाचो निर्देश आयोगान दिला.

**Kerala Elections**

केरळ विधानसभा वेंचणुके खातीर उमेदवारी दाखल करपाची मुजत फाल्यां सोंपतली. सगल्या 140 मतदारसंघांतले उमेदवार उमेदवारी दाखल करपाक आनी प्रचार कार्यावळी करपाच्या कामाक लागल्यात. उमेदवारी अर्जांची छाननी परवा जातली. 9 एप्रीलाक मतदान जातलें, आनी मतमेजणी 4 मे दिसा जातली.

मजगतीं, राज्यभर वेंचणुकेचो प्रचार नेटान चालू आसा. उमेदवार मतदारांक व्यक्तिगतपणान सक्रीयपणान मेळटात. सगळ्या राजकी पक्षांतल्या वरिश्ठ फुडाऱ्यांच्या फुडारपणाखाल प्रचार नेटान चालू आसा.

एलडीएफच्या वतीन मुख्यमंत्री पिनाराई विजयन फाल्यां सावन राज्यभर भोंवडी सुरू करतले. 3 एप्रील मेरेन 48 केंद्रांनी आयोजित केल्या बसकांनी ते वाटो घेतले. तशेंच एम.ए.बेबी, एम.व्ही.गोविंदन, ए.विजयराघवन, प्रकाश करात, बृंदा करात हांचो आस्पाव आशिल्ले सीपीआयचे फुडारी वेगवेगळ्या सुवातींनी जावपी भौशीक बसकांनीय उलयतले.

युडीएफच्या वतीन काँग्रेस फुडारी राहुल गांधी प्रचारा खातीर केरळांत पावतले. ह्या म्हयन्याच्या 25 तारखेक कोझीकोडांत तांची रॅली आसा.

एनडीए खातीर केंद्रीय मंत्र्यां सयत वरिश्ठ राष्ट्रीय फुडारी फुडल्या दिसांनी आपल्या प्रचार कार्यावळींचो एक भाग म्हूण राज्याक भेट दितले.

**Trump warning**

तेहरानान 48 वरां भितर होर्मुझ सामुद्रधुनी परतून उक्ती करूंक ना जाल्यार इराणाच्या वीज प्रकल्पांचेर हल्लो करून ते पूर्णपणान नश्ट करतले अशी धमकी अमेरिकेचो राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी दिल्या. ट्रम्प हांणी आयज सकाळीं ट्रूथ सोशलाचेर हो अल्टीमेटम जारी करून इराणाक म्हत्वाचो उदकामार्ग उगडपाक सारकि 48 वरां दिल्या, नाजाल्यार हल्ल्यांच्या दुसऱ्या पाव तोंड दिवचें पडलें. अमेरिका इराणच्या वेगवेगळ्या वीज प्रकल्पांचेर लक्ष्य करतले, पयलीं सगळ्यांत व्हडल्या वीज प्रकल्पा पासून सुरू करतले अशें तांणी सांगलें.

दुसरे पोस्टांत ट्रम्प हांणी इराणाक कबलात करपाची इत्सा आसा, पूण आपणाक ना. आपूण आपलीं उद्दिश्टां पयलींच सप्तकां आदीं साध्य केल्यात अशे ट्रम्प हाणी म्हटला.

**Weather Goa-**

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन फुडल्या दोन ते तीन दिसांत कोंकण भागान आनी गोंयात उश्णताय वाढतली आनी दमट हवामानाची परिस्थिती आसतली असो अदमास उक्तायला. हिमालय, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम भागान  गडगड वीज आनी वादळी वरयाचो अदमास आसा. फाल्यां दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, ओडिशा, मध्य  महाराष्ट्र, मराठवाडा भागान   अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले, फाल्या सकाळी आठ जावन चाळीस मिनटाचेर....